**Panaji regional news 18.oct 2025,7.25 am**

**DIP 100**

सर्गेस्त रवी नाईक हांच्या उगडासाक आर्गां ओपपाक गोंय सरकारान फाल्या सकाळी 10.30 वराचेर कला अकादमीच्या सभाघरात शोकसभा आयोजीत केल्या. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, महाराष्ट्राचे मुख्यमंत्री देवेंद्र फडणवीस, गोंयचे आदले मुख्यमंत्री, उपमुख्यमंत्री आनी हेर मंत्री शोकसभेक उपस्थित रावतले. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सर्गेस्त रवी नाईक हांच्या सगळ्या हितचिंतकांक शोकसभेक हजर रावपाचे आवाहन केला.रवी सिताराम नाईक हांचो जल्म 18 सप्टेंबर 1946 दिसा फोंडा जालो. तांणी महाराष्ट्रवादी गोमंतक पक्ष, कॉग्रेस आनी भारतीय जनता पक्षाच्या तिकेटीचेर वेंचणूक लडयली. तांणी मुख्यमंत्री, उपमुख्यमंत्री, मंत्री, खासदार आनी आमदार म्हूण गोंयच्या लोकांची सेवा केली.2022 च्या विधानसभा वेंचणूकेत ते भाजपाच्या उमेदवारीचेर फोंडा मतदारसंघातल्यान वेंचून आयले. सध्याच्या मंत्रीमंडळात ते शेतकी, नागरी पुरवण मंत्री आशिल्लें

**Ganesh 55**

उत्तर गोंय जिल्लोधिकारी बसकेत सार्ट्रे- सत्तरींतल्या 94 रानां हक्कांच्या दाव्यांक मान्यताय दिल्या. जिल्लोधिकारी पांवड्यावयल्या बसकेंत 101 अर्जांचेर चर्चा जाली. तातूंतले 7 अर्ज उपविभागीय समिती कडेन धाडले.उत्तर गोंय जिल्होधिकारी अंकित यादव हांणी ही म्हायती दिली. डिसेंबर मेरेन प्रलंबीत आशिल्ले रानां हक्कांचे दावे निकालांत काडपाचे लक्ष्य सरकारान थारायलां. हें लक्ष्य पुराय करपाचे दिकेन काम चालू आसा अशेंय तांणी सांगलें.

**DIP 65**

युवा उदरगतीच्या मळार तोखणायेची सेवा करपी सक्रीय आनी क्रियाशील व्यक्ती आनी आपवावूरपी संघटनां, महाविद्यालयां, युवा क्लब आनी बिगर सरकारी संघटनां कडल्यान खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालयान 2023-24 आनी 2024-25 वर्सांच्या राज्य युवा पुरस्कारां खातीर अर्ज मागयल्यात. अर्ज करपाची मुजत 31ऑक्टोबर 2025 मेरेन वाडयल्या.वैयक्तिक पुरस्कारा खातीर 15 ते 29 वर्सां पिराये मदले

युवक अर्ज करपाक पात्र आसात. म्हायती खेळ आनी युवा वेव्हार संचालनालयाच्या www.dsya.goa.gov.in ह्या व्हेबसायटीचेर अपलोड केल्ली आसा.

**Ganesh 65**

७ कोटी खर्चून थिये नवो गृहनिर्माण प्रकल्प प्रस्तावीत जाला. हे सुवातेर हो प्रकल्प बांदपा खातीर गोंय गृहनिर्माण मंडळान निविदा मागयल्यात. गोंय गृहनिर्माण मंडळाचे माडेल थिवी सेक्टर डींत हो प्रकल्प येवपाचो आसा. ह्या प्रकल्पांत २४ सिंगल बेडरूम फ्लॅट, रस्ते आनी दुरीग बांधकाम, घाणयारे उदक प्रकल्प आनी ट्रान्सफोर्मर सुविधेचो आस्पाव आसा. निविदा सादर करपा खातीर ०६ नोव्हेंबर २०२५ ही निमणी तारीख आसा, अशे गृह निर्माण मंडळान कळीत केलां.

**GST डेस्क ३५**

सरकारान सुरू केल्यो वस्तू आणि सेवा कर सुधारणाक लागून २२ सप्टेंबर सावन गिरायकांच्या दिसपट्यां वापराच्या वेगवेगळ्या वस्तूं वेलो कर दर कमी जाले. या सुधारणांचो फायदो आणि लाव शेती खातीर कसो जाता ते विशी मत मांडतात एक थलावे उदय byte

३५

आकाशवाणी पणजी केंद्र कंत्राटी पद्धतीचेर खबरा वाचका

खातीर अर्ज मागयता. पदवी धर कोकणी भाशेचे पुराय गिन्यान तशेच भाषांतर करपाचेर प्रभुत्व आसप गरजेचे. अर्ज पावपाची निमणी तारीख 20 oct आसा. अधिक माहिती खातीर आकाशवाणीच्या खबरा विभागा कडे संपर्क साधचो.

**सुशांत 50**

साश्ट तालुक्यातल्या राय पंचायतीची सरपंच जासिंता डायस हांचेआड दाखल केल्लो अविश्वास थाराव संमत जाल्ल्यान तांकां ह्या पदावयल्यान सकल देंवचे पडला. काल जाल्ल्या मतदानात ६ आड ५ मतांनी हो थाराव संमत जालो. ह्या आदीं ह्या

पंचायतीत उपसरपंचय बदलिल्लो. फाटले उपसरपंच हांणी ह्या पदाचेर गोडफ्रे आइझवल्ड डिसोझा हे वेंचून आयिल्ले.

**Sports** ३५

30व्या राष्ट्रीय सब जुनियर  टेनिस बोल क्रिकेट सर्तीत गोयच्या चलया पगदान विजेते पद मेळ्यताना उत्तर प्रदेशाक ४ धावडयांनी हारायले.
गोंय वेटरन्स कर्केत असोसीएशनाची तिसरी अखिल गोय वेटरन्स क्रिकेट लीग सरत १३ ते 16 नोवेम्बर मजगती जातली

वेदर 50

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 34.5 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 24.9 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले काय दिस काय वाठरांनी हल्को ते मध्यम  प्रमाणात पावस पडू येता .वारे वराक 30 ते 40 किलो मिटर वेगान व्हावतले ताचो वेग 50 किलोमीटर इतलो वाडू येता अशे वेधशाळेन कळीत केला